# राज्यपालाहस्तूकीं हिन्दी सृजनोत्सव कार्यक्रमाचे उक्तावण

ता. 21 सप्टेंबर 2017
30 भाद्रपद 1939

हिन्दी भाशेक मानाचे स्थान मेळोवन दिवपाखातीर घराघरातल्यान हिन्दीचो वापर जावपाची गरज असा, अशें राज्यपाल डॉ. (श्रीमती) मृदूला सिन्हा हांणी सांगले.

राज्यपाल मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेवतीन आयोजित हिन्दी सृजनोत्सव कार्यक्रमाचे उक्तावण केले उपरांत उलयताल्यो. संस्थेचे अध्यक्ष श्री. संजय हरमलकर, हिन्दी लेखीका प्रा. आशा गेहलोत, संस्थेचे वांगडी सचिव श्री. गोरख मांद्रेकर आनी श्रीमती जयश्री रॉय हरमलकर ह्यावेळार उपस्थीत आशिल्ल्यो.

सुरवेक श्री. संजय हरमलकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्रीमती जयश्री रॉय करमलकर हांणी राज्यपालांची वळख करून दिली.

खंयचेय भाशेचो विकास जातलो जाल्यार त्या भाशेचो प्रचार आनी प्रसार जावपाक जाय आनी त्याखातीर सगळ्यांनी प्रयत्न करपाक जाय, अशें सांगून राज्यपालान हिन्दी भाशा ही भारतीयांची मना काळजाची भाशा आशिल्ल्याचे सांगले.

हिन्दी भाशेच्या प्रचाराखातीर खास कार्यक्रम आयोजित केल्लेखातीर राज्यपालान मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेचेय अभिनंदन केले. ह्यावेळार राज्यपालांहस्तूकी श्रीमती जयश्री रॉय हरमलकर हांच्या पुस्तकांचे विमोचन जाले.

तशेंच राज्यपालाहस्तूकीं पदवी आनी पदव्यूत्तर परीक्षेत हिन्दी विशयात चड गुण घेतलेले विद्यार्थ्यी दिपाली सुतार, रश्मी देसाय, ज्योती बोवालकर, श्वेता सतरकर, अंजीता वेळीप आनी प्रिया गोसावी हांचो प्रशस्तीपत्र आनी भेटवस्तू दिवन गौरव केलो.

निमणे वांगडी सचिव श्री. गोरख मांद्रेकर हांणी उपकार मानले.